राष्ट्रीय खबरो १४.05.२०२६ @ ८.४० AM

आज सावन दोन दिसांची ब्रिक्स परराष्ट्र मंत्र्यांची बसका सुरु जाता

प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदी फाल्या संयुक्त अरब अमिरात (UAE), नेदरलँड्स, स्वीडन, नॉर्वे आणि इटलीच्या स दिसांच्या दौऱ्यार वतले

केंद्रीय वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल यांनी नवी दिल्लीत मालदीवचे परराष्ट्र मंत्री इरुथिशाम आदम हांची भेट घेतली.

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं रायपूरांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू (आरसीबी) पंगडान कोलकाता नाइट रायडर्स (केकेआर) पंगडाक 6 विकेटींनी हारयले

Brics

आज सावन सुरू जावपी दोन दिसांच्या ब्रिक्स परराष्ट्र मंत्र्यांच्या बसकेचे अध्यक्षपदार परराश्ट्र मंत्री एस. जयशंकर आस्तले. बसकेंत ब्रिक्साचे परराश्ट्र मंत्री, तशेंच वांगडी आनी भागीदार देशांतले प्रतिनिधी मंडळ मुखेली हाजीर आसतले. हातुत सहभागी जावपाक इंडोनेशियाचे परराष्ट्र मंत्री सुगिओनो हे सनवी दिल्लीत दाखल जाल्यात. हे विशी भारताच्या परराश्ट्र मंत्रालयाचे अधिकृत प्रवक्ते रणधीर जैसवाल हांणी सांगले Byte

हे बसकेंत ब्रिक्स वांगडी देशांचे परराश्ट्र मंत्री परस्पर हितसंबंदीत जागतीक आनी प्रादेशिक प्रस्नांचेर विचारांचे आदान-प्रदान करतले. दुसर् या दिसा ब्रिक्स वांगडी आनी भागीदार देश "ब्रिक्स@20: लवचीकता,नवनिर्माण, सहकार्य आनी शाश्वतता" ह्या विशयाचेर आदारीत सत्रांत वांटो घेतले. ताचे उपरांत " जागतिक प्रशासन आनी बहुपक्षीय वेवस्थेतली सुदारणा" ह्या विशयाचेर अधिवेशन जातलें.

मोदी

प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदी फाल्या संयुक्त अरब अमिरात (UAE), नेदरलँड्स, स्वीडन, नॉर्वे आणि इटलीच्या स दिसांच्या दौऱ्यार वतले. आज सांजे नवी दिल्लीत माध्यमांक माहिती दिताना, परराष्ट्र मंत्रालयाचे सचिव  सिबी जॉर्ज यांनी सांगले की, आपल्या पाच देशांच्या दौऱ्याच्या पयल्या टप्प्यात मोदी शुक्रा .UAE त पावतले आनी राष्ट्रपती शेख मोहम्मद बिन झायद अल नाहयान यांची भेट घेतले.या दौऱ्यात  ऊर्जा सुरक्षा हे प्रमुख लक्ष्याच्या क्षेत्रांपैकी एक आसा. या दौऱ्यात एलपीजी आणि सामरिक पेट्रोलियम साठो या क्षेत्रांत दोन समजीकायेची कबलात जावपाची शक्यता आसा

आसाम

आसाम सरकार समान नागरी संहिता' (UCC) विधेयक ह्या म्हयन्याच्या 26 तारखेक राज्य विधानसभेंत मांडटलें. मुख्यमंत्री म्हूण आपल्या दुसऱ्या कार्यकाळाचे पयले मंत्रीमंडळ बसकेचे अध्यक्ष म्हणा जाल्या बसके उपरांत प्रसार माध्यमां कडेन संवाद सादतना मुख्यमंत्री हिमंटा  बिश्व सरमान ही म्हायती दिली. आसाम विधानसभेचें खाशेलें अधिवेशन 21 मे ते 26 मे मेरेन जातलें; ह्या अधिवेशनांत नव्यान वेंचून आयिल्ले आमदार सोपूत घेतले. ह्या निर्णया उपरांत उत्तराखंड आनी गुजरात उपरांत समान नागरी संहितेचें विधेयक हाडपी देशांतलें तिसरें राज्य आसाम थारतलें.

बंगाल

अस्तंत बंगाल सरकारान बटाट, कांदो, फळां, भाजीपालो, तेलबीयो, अन्नधान्य आनी हेर गरजेच्या वस्तूंच्या आंतरराज्यीय येरादारीवेले  आशिल्ले सगळे निर्बंध काडून उडयल्यात. हे निर्बंध तेन्नाच्या तृणमूल काँग्रेस (टीएमसी) सरकारान लागू केल्ले. दुसरे वटेन एका महत्त्वपूर्ण घडामोडीत, पश्चिम बंगाल सरकारन शिक्षक भरती, नगरपालिका भरती आणि सहकारी सेवांमधल्या  भरती घोटाळ्यांकडे  संबंधित प्रकरणा सीबीआयकडे दिवपाचो निर्णय घेतला आहे. तशेच, तृणमूल काँग्रेस सरकारान  सेवानिवृत्तीउपरांत ज्या व्यक्तींक परत  सेवेत घेतिले त्या सगळया व्यक्तींची सेवा पश्चिम बंगाल सरकारान बंद केल्या

## सूद

कैंद्रीय तपास ब्युरोचे संचालक प्रवीण सूद हांकां सरकारान एक वर्षाची मुदतवाढ दिल्या. कार्मिक आनी प्रशिक्षण खात्यान जारी केल्ल्या अधिकृत आदेशा प्रमाण मंत्रीमंडळाच्या नेमणूक समितीन सूद हांकां ह्या म्हयन्याच्या 24 तारखे उपरांत चवकशी एजन्सीचे संचालक म्हणून मुदतवाढ दिवपाक मान्यताय दिल्या.

## एआय

भारताची सर्वसमावेशक एआय परिसंस्था घटमुट करपाक  इंडिया एआयन कार्या वांगडा समजीकायच्या कबलातीचेर सय केली. इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती तंत्रज्ञान मंत्रालयाच्या अंतर्गत आशिल्या इंडियाएआय मिशनान, एआय अर्थव्यवस्थेची सुलभता वाडोवपाक काम करपी कार्या या गैर-लाभकारी संस्थेवांगडा ही कबलात केला. इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती मंत्रालयान म्हणला की, ते डेटा, तंत्रज्ञान आणि क्षमता बांधणीतल्या सहकार्याच्या माध्यमातल्यान भारताची सर्वसमावेशक कृत्रिम बुद्धिमत्ता परिसंस्था घटमुट करपाक काम करतले.

## Sugar

सरकारान सप्टेंबर २०२६ मेरेन वा मुखावलो आदेश ये मेरेन, कच्ची साखर, धवी साखर आणि शुद्ध साखर हाचे सयत साखरेच्या निर्यातीर तात्काळ बंदी घाल्या. एका अधिसूचने प्रमाण परकीय व्यापार महासंचालनालय (DGFT)न निर्यात धोरणात 'प्रतिबंधित' वेल्यान 'निषिद्ध' असो बदल केला . ही बंदी CXL आणि TRQ कोट्याअंतर्गत युरोपियन युनियन आणि अमेरिके क आगाऊ प्राधिकरण योजना AAS अंतर्गत तसेच हेर देशांच्या अन्नसुरक्षेच्च्यो गरजो पू राय करपाक सरकार-ते-सरकार स्तरार निर्यात जावपी साखरे क लागू जावचो ना.

गोयल

केंद्रीय वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल यांनी नवी दिल्लीत मालदीवचे परराष्ट्र मंत्री इरुथिशाम आदम हांची भेट घेतली. सोशल मीडिया चेर एका पोस्टत गोयल हाणी म्हणाले की, दोन्ही देशांमधल्या राजनैतिक संबंधां क ६० वर्सा पुराय जावपाच्या निमित्तान या बसके वेळार दोन्ही फुडाऱ्यांनी भारत आणि मालदीवमदल्या मजबूत आणि विशेष भागीदारीची पुष्टी केली. भारत-मालदीव मुक्त व्यापार कबलाती खातीर वाटाघाटीक गती दिवप द्विपक्षीय गुंतवणूक कबलात मुखार व्हरप, थळाव्या चलनांत व्यापार व्यवहारांक प्रोत्साहन दिवप आणि पर्यटन, डिजिटल पेमेंट आनी व्यवसाय-ते-व्यवसाय संबंधांमदी सहकार्य अधिक दृढ करपाचर या चर्चेत लक्ष केंद्रित केला

CCEA

आर्थिक व्यवहार विषयक मंत्रिमंडळ समिती (CCEA)न २०२६-२७ च्या विपणन हंगामा खातीर १४ खरीप पिकांच्या किमान आधारभूत किमतीत (MSP) वाढ करपाक मंजुरी दिल्या. केंद्रीय मंत्रिमंडळाच्या बसके उपरांत प्रसारमाध्यमांकडे उलयताना माहिती आणि प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी म्हणले की, शेतकऱ्यांक त्यांच्या उत्पादनाखातीर किफायतशीर भाव मेळचो म्हण सरकारन खरीप पिकांच्या किमान आधारभूत किमतीत वाढ केल्या. खरीप हंगामाखातीर शेतकऱ्यांक अंदाजे दोन लाख ६० हजार कोटी रुपये मेळटले आनी या हंगामात अंदाजे ८२४ लाख मेट्रिक टनांपरस चड पिकांची खरेदी करतले.वैष्णव हाणी म्हणाले की, सूर्यफूल बियाण्यां खातीर किमान आधारभूत किमतीत प्रति क्विंटल ६२२ रुपयांची सर्वाधिक वाढ, त्या उपरांत कापसा खातीर प्रति क्विंटल ५५७ रुपये आणि तिळा खातीर प्रति क्विंटल ५०० रुपयांची वाढ सुचयल्या

जयशंकर

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी  नवी दिल्लीत दक्षिण आफ्रिकेचे आंतरराष्ट्रीय संबंध आणि सहकार मंत्री, रोनाल्ड लामोला कडे चर्चा केली.संस्थागत यंत्रणे वरवीं द्विपक्षीय संवाद चड खर करपाची गरज आसा हाचेर दोनूय वटांनी एकमत आसा अशें डॉ.जयशंकर हांणी सांगलें. तांणी भारत-दक्षिण आफ्रिका सामरिक भागीदारीच्या वेगवेगळ्या तासांचो नियाळ घेतलो आनी परस्पर हिताच्या मुखेल बहुपक्षीय प्रस्नांचेर चर्चा केली अशें डॉ. . एस. जयशंकर हाणी सांगलें. सोशल मिडियाचेर रोनाल्ड लामोलान हाणी  दक्षिण आफ्रिकेच्या शिश्टमंडळाक येजमानकी दिल्ल्या खातीर भारताचे उपकार मानले आनी ब्रिक्स परराश्ट्र मंत्र्यांचे बसके वरवीं आंतरराष्ट्रीय संवादाक चालना दिवपा खातीर भारतान केल्ल्या यत्नांची तोखणाय केली. राजनैतिक संबंद स्थापन जाले उपरांत तीन दशकां परस चड काळ भारत आनी दक्षिण आफ्रिकेचे लागींचे आनी अर्थपूर्ण संबंद आसात अशें तांणी सांगलें.

Announcement

आकाशवाणी पणजी ‘कॅज्युअल असाइनीज’, न्यूज रीडर-कम- ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयता. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश- कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज ‘हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. निवड प्रक्रिया लेखी परीक्षा आनी मुलाखत अशा दोन पांवड्यार जातली. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

**mkb**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या मन की बात कार्यावळीच्या १३४ साव्या कार्यावली खातीर लोका कडच्यान सुचोवण्यो मागयल्यांत. ३१ मेक मन की बात कार्यावळीच्या ह्या भागाचे

प्रसारण जातलें. ह्या खाशेल्या भागा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीनागरिकांकडच्यान आपले विचार, अभिनव संकल्पना आनी म्हत्वाच्या समाजीक प्रस्नांचेर सुचोवण्यो यल्यात. लोकांच्या सहभागांतल्यान राष्ट्रनिर्माणाचो हो प्रवास चड प्रभावी करपा खातीर सामान्य लोकांनी आपल्यो सुचोवण्यो थेट प्रधानमंत्र्यांकडेन धाडच्योअशें तांणी मांगला.लोकांनी आपलीं सुचोवण्यो ‘मायगॉव’ ह्या उक्त्या मंचाचेर धाडच्यो वा 1800-11-7800 हो टोल फ्री नंबराचेर फोन करून दिवंच्यो. हांतूतल्यो कांय सुचोवण्यो लायव्ह प्रसारणा वेळार प्रधानमंत्र्यांच्या भाशणाचो भाग जावंक शकतात. सुचोवण्यो धाडपा खातीर नागरिकांनी 1922 ह्या क्रमांकाचेर मिस्ड कॉल दिव येता. मिस्ड कॉल केल्या उपरांत मेळिल्ल्या एसएमएसांतल्या लिंकाचेर क्लिक करून नागरिक आपलीं सुचोवण्यो थेट प्रधानमंत्र्याक धाडूंक शकतात.

आयपीएल

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं रायपूरांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू (आरसीबी) पंगडान कोलकाता नाइट रायडर्स (केकेआर) पंगडाक 6 विकेटींनी हारयले . ह्या जैताक लागून आरसीबीन 16 गूण मेळोवन गुणतालिकेत पयल्या क्रमांकाचेर पावलां;

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज अस्तंत मध्य प्रदेश आनी अस्तंत राजस्थानांतल्या काय सुवातानी मध्यम ते खर उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण झारखंड, दर्यादेग कर्नाटक, आनी उत्तर कर्नाटकात फुडल्या 2 दिसांनी गडगड मारपाची शक्यताय आसा.